२३-०५-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

गडकरी 65

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी फाल्या नव्या झुवारी पुलाचेंर जावपी Eiffel Tower- प्रेरित निरिक्षण tower आनी viewing gallary ची बुनयाद चिखली सभाघरात सांजेच्या ६ वराचेंर घालतले. ह्या टॉवराखातीर २७०.०७ कोटी रुपयाइतको खर्च येतलो. हो प्रकल्प भौशिक, खासगी भागीदारी ह्या तत्वाचेंर बांदतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. अशा पध्दतीचो देशाचो हो पयलो प्रकल्प. अडीच वर्सांत ह्या प्रकल्पाचे काम पुराय जातले..

उप -राश्ट्रपती - ९०

आमच्या भारत देशाकडे गिरेस्त संस्कृताय तशेंच इतिहासिक दायज आसा, तशेंच प्राचीन आर्युवेदा उपचार पध्दत, गणितशास्त्र, खगोलशास्त्र,वास्तुशास्त्र,वेगवेगळी कला, कुशळटाय हातुन भारत संवसारात पयल्या पावंड्यार आसा. ह्या खाशेलपणाक लागुन पूराय संवसार

भारताकडेन सन्मानान पळयता. आनी हाकाच लागुन जण एक भारतीया ही दायज  सांभाळून दवरपाची गरज आसा अशें उप राश्ट्रपती जगदीप धनखड हांणी म्हळे.  उप -राश्ट्रपती जगदीप धनखड  हांच्या हस्तुकी  चिकीत्सेचे जनक आचार्य सुश्रुत तशेंच आर्युवेदाचे जनक आचार्य चरक हांच्या पुतळ्याचे काल अनावरण जाले. हे शिवाय वामन वृक्ष कला उद्यान ह्या 1008 बोन्साय झाडा आशिल्लया गार्डनाचे उक्तावण जाले ते वेळार ते उलयताले.

DIP  100

उप राश्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी आयज आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिटट्यूट (CCARI) हांगाच्या शास्त्रज्ञ आनी शेतकारां कडेन संवाद सादतना शेतकारांच्या भुमिकेंत मुळावो बदल करचो,पिकाच्या उत्पादनापरस मुखार सरून पुराय शेतकी मोल साखळीची - मार्केटींग ते मोल जोडप मेरेन मालकी घेवचो तशेच  तळागाळांतल्यान नवनिर्माण आनी अर्थीक उदरगत चालीक लावपी "शेतकी उद्देजक" () हांची गरज आसा असो उलो तांणी

शेतकी संबंदीत उद्देगां विशी ताणी नदरेक हाडलें की शेतकार प्रक्रिया वा विपणनांत वांटो घेना जाल्यार ग्रामीण अर्थवेवस्थेक त्रास जाता. शेतकारांनी फकत दूद विकचें न्हय, तर धय, ताक, गोड पदार्थ आनी आइसक्रीम तयार करून

विकचें अशें सांगून पुर्विल्ल्या भारतांतल्या स्वयंपूर्ण ग्रामीण अर्थव्यवस्थांकडे परतुपाचे आवाहन केले.

Jeetendra 60

भारताच्या ध्रुवीय आनी दर्या संशोधन क्षमतेक महत्त्वपूर्ण चालना दितना गोंयांतल्या नशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च (NCPOR) हांगा आयज ध्रुवीय भवन आनी सागर भवनाचें उक्तावण पृथ्वी विज्ञान आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग हयांच्या हसतुकी जाले. महासागर आणि हवामान बदलाच्या भू-राजकीयतेर जागतिक लक्ष केंद्रित करून, मंत्र्यांनी भारताच्या "ब्लू इकॉनॉमी" क मुखार व्हरपाक आणि खोल महासागर मोहिमेक तेको दीवपाक NCPOR ची धोरणात्मक भूमिका तांनी अधोरेखित केली.

आईपीएल - ५०

आईपीएल क्रिकेट सर्तीतकाल राती जाल्ल्या खेळात लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान गुजरात टाइटंस पंगडाक 33 धावंड्यांनी हारयले.

पयली फलंदाजी करताना लखनौ पंगडान निर्धारित २० षटकांत २ बाद २३५ धावंड्यो केल्यो. उपरांत, गुजरात पंगडाक फकत २०२ धावंड्योच  करप शक्य जाले.

आयज रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ लखनौत सांजे ७.३०क जातलो.

हवामान ५०

फुडल्या 2 दिसांत केरळांत मान्सून तयार जावपा  खातीर परिस्थिती अनुकूल जावपाची शक्यताय आसा. ह्या काळांत दक्षिण कोंकण-गोंय दर्यादेगेर उदेंत मध्य अरबी दर्याचेर उण्या दाबाचो वाठार तयार जाव येता. उत्तर आनी दक्षिण गोयात काय सुवतांनी दडकानी पाऊस पडपाची शक्यता आसा आनी ताशी ३०-४० किमी ते ५० किमी नेटान वारे मारपाची शक्यताय हवामान खत्यान उकतायल्या.